Panaji National

16-May-2026 6.30 PM

## PM Modi

हेगांत जाल्ल्या सामुदायीक कार्यावळीन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी वाटो घेतलो. हाजीर आशिल्ल्या लोकांची उमेद पळोवन आपल्याक भारतांतल्या एका महोत्सवांत वांटो घेता अशें दिसलें अशें म्हणीत प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें...
फुडें तांणी हेग हें भारत आनी नेदरलँड हांच्यामदी असलेल्या इश्टागतीचें प्रतीक म्हटलें.

## Trump

होर्मुझ सामुद्रधुनी उक्ती जातली आनी अमेरिका इराणाक अणुशस्त्रां मेळोवंक दिवचे नात अशें अमेरिकेचें राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी प्रसारमाक दिल्ले मुलाखतींत सांगलां. अमेरिके कडेन इराणा करीत आशिल्ल्या वाटाघाटीचेरूय अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष ट्रम्प हांणी टिका केली आनी म्हटलें, दर खेपे इराण कबलात करता, आनी मागीर अशें केन्नाच घडूंक नाशिल्ल्यावरी वागता.

## India-UAE

पेट्रोलियमाचो सांठो, दीर्घकाळ एलपीजी पुरवण आनी संरक्षण सहकार्य ह्या मळार भारत आनी संयुक्त अरब अमीरात हांचे मदीं जायत्यो म्हत्वाच्यो कबलाती जाल्यात. अस्तंत आशियांत चालू आशिल्ल्या संघर्शा मदीं अबू धाबींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी अध्यक्ष शेख मोहम्मद बिन जायद अल नहयान हांचे मदीं उच्च पांवड्यावेल्या उलोवणी उपरांत ह्यो कबलाती जाल्यात. संयुक्त अरब अमीरातीनय भारतांत 5 अब्ज डॉलर गुंतवणूक करपाचें उतर दिलां.

## Indian Army

पाकिस्तानान आतंकवाद्यांक आलाशिरो दिवचो न्हय आनी भारता आड कारवाय करप बंद करचें अशें भारतीय लश्करी मुखेल जनरल उपेंद्र द्विवेदी हांणी आयज सांगलें. नवी दिल्लींतल्या जाल्ले 'सेना संवाद' ह्या कार्यावळींत उलयतना द्विवेदी हाणी सांगलें....
पाकिस्तानान भारता आड अशो कारवायो चालू दवरल्यो जाल्यार पाकिस्तानाक भूगोलाचो वा इतिहासाचो भाग जावचो असा हें तांकां थारावचें पडटलें अशी शिटकावणी तांणी दिल्या.

## NEET

नीट पेपर लीक प्रकरणांत जीवशास्त्रा म्हटल्यार बायोलॉजीची प्रस्नपत्रिका लीक जाल्ल्यान आयज सीबीयायान एकल्याक अटक केल्या. मनीषा गुरूनाथ मांढरे नांवाची ही आरोपी महाराष्ट्रांतल्या पुणेची एक वरिश्ठ वनस्पतशास्त्र शिक्षक आसा. नीट परिक्षेचे प्रक्रियेंत तिचो वांटो आशिल्ल्यान नेशनल टेस्टिंग एजन्सी कडल्यान तज्ञ म्हणून तिची नेमणूक केल्या अशें सीबीआयन सांगलें. आतां मेरेन ह्या प्रकरणांत दिल्ली, जयपूर, गुरूग्राम, नाशिक, पुणे आनी अहलियानगरांतल्यान ९ आरोपींक अटक केल्या. तातूंतल्या पांच आरोपींक पयलींच न्यायालयांत हाजीर केल्यात आनी तांकां पुराय चवकशी करपा खातीर सात दीस पुलिसांच्या ताब्यांत दवरल्यात. काल अटक केल्ल्या हेर दोग आरोपींक पुण्यांतल्या न्यायालयांत सादर केल्यात आनी तांकां ट्रांझिटांत रिमांडाचेर दवरल्या उपरांत दिल्लीं व्हेल्या.

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा विभागा वरवी 'खबरा वाचक तशेच अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. पिराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. अर्ज करपाची निमणी तारीख 1 जून २०२६ आसा. कोंकणी भाशेचें गिन्यान , तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें. प्रसारणाखातीर आवाज योग्य आसपाक जाय. इत्सूक उमेदवारांनी थारायल्ली फी भरची आनी ताची पावती जोडून आपलो अर्ज 'हेड ऑफ आरएनयू, आकाशवाणी आल्तिन्हो पणजी, हांगा सादर करचो. अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.

## Weather-

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या दोन दिसांत अंदमान आनी निकोबार, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम, आसाम, मेघालय आनी दक्षिण कर्नाटकांत व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास काडला. हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन झारखंड, मध्य प्रदेश, राजस्थान, उत्तर प्रदेश आनी विदर्भ ह्या वाठारांनी उश्णतायेची ल्हारां यवपाची शिटकावणी दिल्या, जाल्यार कोंकण आनी गोंयच्या कांय वाठारांनी उश्ण आनी दमट हवामानाची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान सांगलां.

## Sports

आयपीएल क्रिकेट सर्तींत आयज सांजवेळार कोलकाता नाइट रायडर्स आनी गुजरात टायटन्स ह्या पंगडांमदीं खेळ जातलो. हो खेळ ईडन गार्डन्सांत खेळटले. सांजवेळा 7:30 वरांचेर हो खेळ सुरू जावपाचो आसा.